**कामगार आनी रोजगार कार्यालयावतीन बँकिंग क्षेत्रात भरती मोहिम आनी जीसीईटी सेमिनारचे आयोजन**

ता. 24 जून 2022

गोंय सरकाराच्या कामगार आनी रोजगार आयुक्त कार्यलयाच्या मॉडेल करिअर सेंटरान नोकरी करपाक इत्सुक आशिल्ल्या पदवीधरांखातीर 28 जून 2022 दिसा सकाळी 10.00 ते सांजेची 5.00 ह्या वेळेत एचडीएफसी बँकेच्या सहकार्यान आनी 30 जून 2022 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर कोटक महिंद्रा समूहाच्या सहकार्यान बँकिंग क्षेत्रांत भरती मोहिम (प्लेसमेंट ड्रायव्ह) आयोजीत केल्या.

तशेंच 1 जुलय 2022 दिसा बारावी उत्तीर्ण विद्यार्थ्यांखातीर दनपारां 2.00 ते सांजेची 5.00 ह्या वेळेत चर्चासत्र आयोजीत केला. हे तीनय कार्यक्रम एमसीसी ट्रेनिंग हॉल, चौथो माळो, श्रमशक्ती भवन, पाटो-पणजी हांगा जातले. भरती मोहिमे (प्लेसमेंट ड्रायव्ह) खातीर इत्सुक उमेदवार थेट मुलाखातीखातीर हजर रावपाक शकतात. जाल्या सेमिनाराखातीर इत्सुक उमेदवारांनी https://rb.gy/pgdknk हांगा नावनोंदणी करची.

चड म्हायती खातीर 9764767751 आनी 8087657126 चेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/438

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji